# कोंकणी बाल साहित्याची सद्दस्थिती

डॉ. प्रकाश पर्येंकार

कोंकणी साहित्याच्या मळार सद्याचे स्थितीचेर नदर मारतलो जाल्यार मुळांत ही आयची स्थिती तयार जावपाक कांय गजाली कारण थारल्यात. तांचो हांगां उल्लेख करप म्हत्वाचें अशें दिसता.

गोंय मुक्ती (1961), कोंकणी भाशेक साहित्य अकादेमिची मान्यताय (1975), कोंकणी राजभाशा (1987), भारतीय संविधानाच्या आठव्या परिशिश्टांत कोंकणीचो आस्पाव (1992) ह्यो कांय घडणुको कोंकणीचें साहित्यीक मळ समृध्द करपाक कारणीभूत थारल्यात. गोंय, महाराष्ट्र, कर्नाटक आनी केरळ राज्यांत स्थापन जाल्ल्यो कांय सरकारी आनी खाजगी संस्थांचो वांटो आनी ताचे वांगडाच अखिल भारतीय कोंकणी परिषदेचें काम कोंकणी साहित्याक सदांच उर्बा दिवपी थारलां.

हाचे अतिरिक्त दोन म्हत्वाच्यो घटणा गोंयांत घडल्यो त्यो म्हळ्यार 1962 वर्सा मुळाव्या पांवड्यार कोंकणीतल्यान सुरू जाल्लें शिक्षण आनी ताच्या सांगातान वयर उल्लेख केल्ल्या विवीध वाठारांत सुरू जाल्लीं नेमाळीं. गोंयांत कोंकणी भास शाळानी शिकोवपाक लागल्यार 53 वर्सां जावन गेल्यांत. हो काळ तसो ल्हान न्हय. प्राथमीक ते विद्यापीठ पांवड्या मेरेन शिकप घेतिल्ले आयजवेर हजारानी विद्यार्थी आसात.

कोंकणी शिकप घेतिल्ले हे विद्यार्थी वेगवेगळ्या मळांचेर आयज कार्यरत आसात.

आमी एकविसाव्या शेंकड्यांत आसात. हें आधूनीक यूग. जी भास तंत्रगिन्यान आपणायता ते भाशेचें पावल मुखार पडटा. जागतीक पांवड्यार सगळ्यांच्या मुखार पावली घालपी इंग्लीश भास हेर भासांक आपल्या प्रभावाखाला ओडून हाडटा. अशे अवस्थेंत कोंकणी सारके ल्हान भाशेचो घुस्मटमार जाल्लो दिश्टी पडटा. गोंयांत कांय कोंकणी शाळांचें जाल्लें इंग्रजीकरण ही ताची एक देख.

समाजवेवस्था नव्या बदलांक आपणायत आसा. हे बदलते मानसिकताये फाटल्यान साबार कारणां आसात. आकर्शण हें तातूंतलें एक. समाज परिवर्तनाच्या तळाकडेन अर्थशास्त्र आशिल्ल्यान ताका आडावप तशें अशक्य. ती एक आंतरीक शक्त. ही शक्त सर्वसामान्यांक आपले वटेन ओडटा आनी ताका आपलोसो करता.

संवसारीक पांवड्यार भाशीक आनी साहित्यीक मळार घडून आयिल्लीं कांय म्हत्वाचीं परिवर्तना कोंकणी भाशेक, कांय मारक जाल्यार कांय तारक थारल्यांत. कोंकणी भास तगची, ती मुखार वचची म्हण आमच्या म्हालगड्यानी केल्ली धडपड आमच्या स्मरणात आसा.

साहित्याच्या मळार तांच्यानी दिल्ल्या योगदानाचीं पानां ताजीं आसात. मुक्त गोंयांत कविता, कथा, नाटक, निबंद आनी कादंबरी मुखार सरतना आमी पळयली. साहित्याच्या ह्या पोरसांत बालसाहित्याचीं झाडां कितलीं चवंरली ? तांकां कितलीं फळां धरलीं आनी कितलीं झडलीं ? हाचो हिशोब आमचेकडेन ना. ह्या मळार जे कश्टले आनी निश्टेन वावुरले तांचेंय गणीत आमी केन्ना मांडलें ना. आनी दुसरे वटेन जें निर्माण जालां हाची परखड समिक्षाय जाल्ल्याचेंय पळोवंक मेळना.

साहित्य अकादेमिचो राष्ट्रीय बाल साहित्य पुरस्कार, गोवा कोंकणी अकादेमी, कोंकणी भाशा मंडळ, कोंकणी कला साहित्य केंद्र, दाल्गाद कोंकणी अकादेमी आनी हेर कांय संस्था बाल साहित्याक पुरस्कार भेटयतात. बाल साहित्य प्रकाशीत करपाक गोवा कोंकणी अकादेमिच्यो खासा कांय येवजण्यो आसात. बाल साहित्याच्या मळार कोंकणी भाशा मंडळान सुरू केल्लें "चिरपूट" हें नेमाळें सद्या कार्यरत आसा. बिम्ब ह्या नेमाळ्या वांगडाच हेर कांय दिवाळी तशेंच हेर अंकांनी बाल साहित्या खातीर राखून दवरिल्ली सुवात आयचे घटकेच्यो जमेच्यो बाजू आसात.

गोंयांत देवनागरी आनी रोमी लिपयेंत बाल साहित्य बरोवपी लेखकांचो आंकडो सुमार 30 इतलो आसा. हातूंत चडशे हेर साहित्य प्रकारांत नांव जोडिल्ले म्हालगडेच लेखक आसात. 25 ते 30 वर्सा पिरायेंतलो एकादोच तरणाटो लेखक बालसाहित्याचे मळार वावुरतना दिसता. मंगळुरच्या मॅलवीन रोड्रीगस हाणी दिल्ले म्हायते प्रमाण जे. एफ. डिसोजा हो कन्नड लिपयेंतलो एक म्हत्वाचो बरोवपी. आनीक दोग- तीग बरोवपी सोडले जाल्यार थंय बाल साहित्याच्या लेखनात रस घेतिल्ले कोण दिसनात. हे संदर्भांत केरळांतूय परिस्थिती व्हडलिशी बरी ना.

35 वयर पुस्तकां उजवाडा हाडून गोंयांत एका काळार बालसाहित्याचे निर्मितीत आघाडेचेर आशिल्लें संजिवनी प्रकाशन (गुरूनाथ केळेकार), नवें गोंय (1962), मारुती (नेमाळें 1975), अपुरबाय (1965), आंकूर, भुरग्यांलो राजहंस (राजहंस वितरण) आनी सुनापरान्त दिसाळ्यांत आयतारच्या अंकांत बालसाहित्याक पुर्ण चार पानां दिवपी तशेंच चवथिच्या निमतान "आमी पिकेन" हो खासा अंक काडपी हें एकमेव कोंकणी दिसाळें आयज कार्यरत ना.

उपरांतच्या काळांत गोवा कोंकणी अकादेमी आनी

कोंकणी भाशा मंडळान राबयल्ले उपक्रम म्हत्वाचे आसून बालगीत निकेतन तशेंच राजहंस, जाग, बिम्ब, जैत, श्री हरी, अपुरबाय, ॐ श्री दत्त पद्मजा, संजना, भूमी, दामोदर, आदिमंत्र ह्या कांय प्रकाशनानी वेळा काळा प्रमाण पुस्तकांची निर्मिती केल्या. हाचे भायर केंद्रीय साहित्य अकादेमी आनी नेशनल बूक ट्रस्ट ह्या राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या संस्थानी दुसऱ्या भासांतलीं पुस्तकां कोंकणीत अणकारीत करून तीं प्रकाशीत केल्ल्यान कोंकणीत मोलाचीं भर पडल्या.

वयल्या कांय घडणुको कोंकणीक पोशक थारल्यात. एक आशावादी चित्र आमचे मुखार आसा. पूण हांगा प्रस्न येता तो कोंकणी बाल साहित्याच्या मळार लेखक, चित्रकार, प्रकाशक, वितरक, वाचक तशेंच हेर संबंदीत घटकांनी नवें आनी वेगळें कितें केलां हो. सरकारी संस्था आशिल्ल्यान लेखक वा प्रकाशकांक फाव तो अर्थीक आदार दिवप हें गोवा कोंकणी अकादेमिची लागणूक आनी तो तिच्या येवजण्यां मदलो एक भाग. 2005 ह्या वर्सा बालनाट्यां बरोवन घेवन तीं गोंयच्या विवीध भागांत सादर करपाक अर्थीक पालव दिवप. तशेंच लेखकां कडल्यान बाल कादंबरी बरोवन घेवन त्यो प्रकाशीत करप हे दोन उपक्रम म्हत्वाचे आनी तोखणायेक पात्र थारतात.

दुसरे वटेन कोंकणी भाशा मंडळान तयार केल्ली शैक्षणीक पुस्तकां आनी हेर साधनां लक्ष वेधून घेतात. हाचे मुखार वचून "शाणि-मस्ती" ह्यो भुरग्यां खातीर तयार केल्ल्यो कोंकणी गितांच्यो सिडी म्हत्वाच्यो आसात. ह्या कामांत भर म्हणून मंगळुरच्या विश्व कोंकणी केंद्रान वट्ट 62 पुस्तकां भुरग्यां खातीर उपलब्ध केल्यांत. हातूंत इ-पुस्तकांचीय भर आशिल्ल्यान कोंकणी बालसाहित्याच्या मळार पडिल्लें हें म्हत्वाचें पावल म्हणचें पडटलें.

1935 वर्सा भुरग्यांलो इश्ट हें शणै गोंयबाब हांचें पुस्तक गोमन्तक छापखानो, मुंबय हे प्रकाशन संस्थेन छापिल्लें. ताचे उपरांत साबार लेखकांनी बालसाहित्याच्या मळार आपलें योगदान दिलां. आयजवेर निर्माण जाल्ल्या पुस्तकांचेर एक नदर मारतकच प्रकर्शान जाणवता तें म्हळ्यार आमच्या चडावत लेखकांनी भुरग्यांक काणी सांगपाचेर चड भर दिला. मनोरंजन हो एकूच उद्देश नदरे मुखार दवरून चडावत लेखन जालां असो ताचो अर्थ जाता. हे पारंपारीक पद्दतेंतल्यान आमचे लेखक आजून भायर सरूंक नात. (मदल्या काळांत मनोहरराय सरदेसाय ह्या कवीन आशयाचे नदरेन वेगळी बाल कविता दिल्ल्याची नोंद मेळटा.) हे गजालीक लागून कोंकणी बाल साहित्याच्या मळार मांडावळीचे नदरेन तेंच तेंच पण आयिल्ल्याचें जाणवता.

बदलत्या आधुनीक काळाक लागून भुरग्यांच्या मानसांत बदल जाल्लो दिश्टी पडटा. तांचे मानसीकतेंत बदल घडून आयिल्ल्यान तांची रुची बदल्ल्या. अश्या वेळार लेखकान वयले गजालीचें भान राखून पारंपारीक काणयांनी वर्तमानातले चालंत संदर्भ घेवन त्यो परत सांगपाची (Retold) गरज उप्रासल्या. नवे विशय निवडून ताचेर अभ्यासपुर्ण केल्लें लेखन आयच्या भुरग्याक आवडटा. गौरी आनी कल्परूख (पुंडलीक नायक) मळबाकडेन संवाद (राजश्री बांदोडकार कारपुरकार) रानवळख (दिनेश मणेरकार), विस्थापनाची कथा (रंगा हरी) अशें knowledge base भुरग्यांचें साहित्य निर्माण करपाचेर कांय लेखकांनी भर दिला म्हणपाचें दिसून येता.

एके कन्नड भाशेंत वट्ट 145 महापुरुशांचीं ल्हान चरित्रां आसात. हेर भारतीय भासांचे तुळेन कोंकणीत अशे तरेचीं पुस्तकां निर्माण जायनात ही खंतिची गजाल. हें यूग स्पर्धात्मक आशिल्ल्यान भुरग्यांक आपूण रावता त्या प्रातांतलो न्हंयो, दोंगर, फातर, दर्या, गिरे, यंत्रा,

घरां, देवळां- चर्ची- मशिदी, रानझाडां, सुकर्णी- सावदां, किडी-मुयो, इतिहासीक थळां, उत्सव - परबो, चरित्रां आनी हेर गजालिंची म्हायती भुरग्याक हाताकडेन जाय आसता. शालेय उपक्रमाचो भाग म्हण आयचो विद्यार्थी आपल्या भोंवतणची साबार म्हायती एकठांय करता. अश्या वेळार तो वाचप घरांनी वचून पुस्तक सोदता. आनी तें मेळना जातकच तो निराश जाता.

भुरग्यांक fantasy आवडटा. अजापीत करपी गजाली तांका भावतात. भव्य-दिव्य जें कितें आसा तें तीं तोखेतात. अपुर्व गजालीनी तीं रस घेतात. सपनातलें जग तांका सुखायता. ह्या तांच्या मनोविश्वाक धरून आमचे कडेन खुपच कमी बालसाहित्य निर्माण जाता. देव, देवचार, भूत, राक्षस ही पारंपारीक चौकट मोडून आमकां विज्ञानीक दृश्टीकोण आपणावन विशयाचो सखोल अभ्यास करून विशयाची मांडणी करपाची व्हड जवाबदारी कोंकणी लेखकाची आसा हें आमी विसरूंक फावना.

सिंड्रेला, टींक बॅल, स्लीपींग ब्युटी, बॅला, लिटल ममेट, स्नो व्हायट, रपुंजर, एल्सा, स्पायडर मॅन, डोरेमोन, छोटा भीम आनी हेर कांय व्यक्तीरेखा भारतीय भुरग्यांच्या मनात घर करून आसात. काणयांतलें वेगळेंपण तांका आवडटा. हाचे फाटलें एक मुखेल कारण म्हळ्यार तातूंतलाr fantacy. हांगा कल्पकता केंद्रस्थान आशिल्ल्यान भुरगीं तातूंत रमतात. एका वेगळ्या विश्वांत तीं प्रवेश करतात.

कोंकणीत आमची अशी खास व्यक्तिरेखा रेखाटपाक आमकां आजून शक्य जावंक ना. आमचे कडेन आमचो मोटर सायकल पायलट आसा. राखणो, रेंदेर, पाडेली, बुडेली आनी पदेर आसा. ल्हारांचेर कसरत करपी रापणकार आसा. गोंयचे हे मातयेंतलीं हीं शक्तीथळां. ह्या पात्रांत प्रचंड उर्जा आसा. ह्या आमच्या व्यक्तिरेखांक नवें रूप दिवपाक आमीच कमी पडल्यात हें आमी मान्य करपाक जाय.

हालींच हांवें Inside Out, Croods आनी Frozen हीं भुरग्यां खातीर आशिल्लीं फिल्मां पळयलीं. कल्पकतायेची तेंगशी गांठिल्लीं हीं फिल्मां आमचे सारक्या पालकांक लेगीत भुरळ घालतात. हेरी पोटर बरोवपी जे. के. रोलींग आमकां जावपाचें ना. पूण रोलिंगाच्या मुखार आमचें एक तरी पावल पडपाक जाय असो हावेस आमच्यानी निश्चितूच बाळगूं येता. हाचे खातीर आमकां जाय ती इत्साशक्त आनी अभ्यासूवृत्ती.

कोंकणीत अस्सल फकत भुरग्यांच्या साहित्याक झोकून दिल्लो आमचे कडेन लेखक ना. कांय जेश्ट कवी, कथाकार, नाटककार फावल्या वेळार हातांत लेखणी घेतात. कारण हांव बाल साहित्यकार म्हणून घेवपाक थोडें उणेंपणाचें आसूं येता. तशें पळोवंक गेल्यार ताका साहित्याच्या मळार म्हत्व दिल्लें दिसना हेंवूय तितलेंच खरें आसा.

एच, एच, हम्फ्री हो अभ्यासक म्हणटा : "The child need strength to loan on, a shoulder to cry on and an example to learn from." भुरग्याचें विश्व चितारतलो जाल्यार आपूण स्वता भुरगो जावंचो पडटा. भुरग्यांचें मानसशास्त्र शिकून समजून साहित्य निर्मीती करप हें आयच्या काळांत एक मोठें आव्हान आसा. आयज आमी एकविसाव्या शेंकड्याच्या हुमऱ्यार आसात. म्हायती आनी तंत्रगिन्यान दिसपट्टे बदलत घडत आसात अश्या वेळार हें मोठें आव्हान कोंकणी लेखकां मुखार उबें आसा.

हे बिकट स्थितीतल्यान प्रवास करतना आमी पारंपारीक विशय घेवन लेखन करीत रावले जाल्यार बाल साहित्याच्या मळार एक पोकळी निर्माण जातली म्हणपाचे संकेत आमकां आतां मेळपाक लागल्यात. इंग्लीश आनी हेर भासांक ही पोकळी भरून काडप शक्य जालां.

दुदाची तान तांकार भागोवपाक आशय-विशय आनी छापणावळिचे नदरेन उच्च दर्जाचीं पुस्तकां भुरग्यांच्या हातार दिवपाक आमकां मेळूंक जाय. अशें जालें जाल्यार भुरगींच आपल्या पालकांक पुस्तकां विकत घेवन दी म्हण हट्ट करतलीं. भुरगीं तीं पुस्तकां आवडीन वाचतलीं.

बाल साहित्याची निर्मीती करताना गिन्यान, नैतीक शिक्षण, बरें चरित्र निर्माण करप हे घटक लेखकाक न्हयकारपाक मेळनात. काल्पनीक कथानक चित्रायतना लेगीत वास्वतायेचें भान लेखकाक विसरपाक मेळना. रानाचो अणभव घेवंक नाशिल्ले लेखक प्राणी आनी वनस्पतींचेर बरयतात. दोंगर-दोंगुल्ली, पालसण-घळण, कडो-खडी, न्हंय-पानशिरो, व्हाळ-व्हाळकूट, तळें-तळी, झरो-झर, सुकण्यांचें भिरें- सावदांचो कळप, पेड- बीळ हाचे मदलो फरक सारको कळूंक ना म्हणपाचें तांचें लेखन वाचतना जाणीव जाता. वड हें झाड खंय किल्लून येता. खंयचें जनावर खंय राबितो करून रावता हाचो चुकिचो तपशील (factual mistakes) कांय कोंकणी पुस्तकांनी वाचूंक मेळटा आनी मन खंती जाता.

लालजी राम शुक्ल ह्या मनोविज्ञानीकान भुरग्यांच्या पिराये प्रमाण चार पांवडे सांगल्यात. 1. शिशू (1ते 5 वर्सां), 2. बाल ( 6 ते 12 वर्सां), 3. किशोर (12 ते 18 वर्सां), प्रौढ (18 वर्सां वयर) ह्या चार गटां मदीं नेशलन बूक ट्रस्टाचीं कांय पुस्तकां सोडलीं जाल्यार "शिशू" ह्या ल्हान भुरग्यां खातीर आमचे कडेन पुस्तकांची निर्मिती जायना. पुस्तकां नासून हो गट जाणीवपुर्वक कुशीक उल्ला हें लक्षांत येता.

आनीक एक गजाल लक्षांत येता ती म्हळ्यार बऱ्या चित्रकाराची कमतरता. Specialization आशिल्लो Illustration काडपी बरो चित्रकार आमकां जाय. गुरूदेव रवींद्र ठाकूर हांकां नंदलाल बोस हांचे सारको सक्षम चित्रकार फावो जालो आनी तांचीं पुस्तकां भुरगीं आवडीन वाचपाक लागलीं.

कोंकणीत तोपाच्या जाग्यार तपलें. वास्वेलाच्या जाग्यार माकड, सांवरिच्या झाडाच्या जाग्यार सातुणाचें झाड, कावळ्याच्या जाग्यार घोण, भुरग्याच्या जाग्यार जाण्टो मनीस अशीं विचित्र चित्रां कांय कोंकणी पुस्तकांनी पळोवंक मेळटात. लेखक आनी चित्राकार हांच्या चर्चेंतल्यान आनी प्रकाशकाच्या सहकारान चित्रांची निर्मिती अपेक्षीत आसता ताचो हांगा अभाव जाणवता.

बाल साहित्यांतली भास ही भुरग्याच्या पिराये प्रमाण म्हळ्यार वयर सांगिल्ल्या गटा प्रमाण ती बदलता. सुटसुटीत भास. जोडअक्षरां विरयत ल्हान वाक्यां. ल्हान परिच्छेद. निवेदन कमी आनी संवाद चड. धर्म-जात, गरीब- गिरेस्त, काळो-गोरो, ग्रामीण - शारी असले भेद हांगा अपेक्षीत आसनात. ह्या कांय गजालिंची कमतरताय आमकां कोंकणी बालसाहित्यांत आशिल्ल्याची जाणीव जाता.

गोंय हें ल्हान राज्य आनी तातूंत कोंकणी - मराठी अशें वेगळेंपण. तशेंच लिपी भेदाक लागून पुस्तक निर्मितीचें अर्थशास्त्र जुळना. पुस्तकां कितलीं खपतलीं हाचो अंदाज करून प्रकाशक पुस्तकां छापता. चित्रकाराची फी तशेंच बरो कागद वापरतलो जाल्यार छापणावळीचो वाडिल्लो खर्च भरून येतलो कांय ना ही तांकां भिरांत आसता. मागीर जाता ती तडजोड. पुस्तक प्रकाशीत जाता पूण दर्जो राखप जायना.

ही अडचण आसून लेगीत कोंकणीतले कांय प्रकाशक पुस्तक छापणावळींत नवे प्रयोग करतात ही बरी गजाल. बरो कागद, रंगीत चित्रां वा फोटो, पुस्तकांचो वेगळो वेगळो आकार कोंकणी पुस्तकांचें आकर्शण थारता. हालींच कुहू हें कविता महाजन हांचें मराठी पुस्तक हातांत पडलें. थ्रीडी कवर, उच्च दर्जाचो कागद आनी ताची केल्ली मांडावळ लक्ष ओडून घेता.

ह्या पुस्तका सांगातान Audio CD आसा. हांगा भुरग्याक पुस्तक वाचूंक मेळटा तशेंच ती नवलिका आयकूंक मेळटा.

पाश्चात्य देशांत Children's Literature Association for Research (Australia) आसा. कॅनडा, युनायटेड स्टेट, फ्रान्स सारक्या देशांनी Children's Literature Association Conference जातात. भुरग्यांच्या साहित्या संबंदीत वेगळ्या वेगळ्या विशयांचेर थंय उक्ती चर्चा जाता. कार्यशाळा आनी परिशदांचें आयोजन लेखकाक मार्गदर्शक थारतलें. पुस्तक बरोवंक जितलो वेळ लागता ताचेकय दुप्पेटीन पुस्तक छापणाळीक लागता. हें सत्य मतींत दवरून आमकां हांगा Children's Literature Akademi for Research अशे एकादे संस्थेची गरज आसा. हे संस्थेचे वतीन सतत नवे प्रयोग जावपाक मदत जातली. नवी आधूनीक पद्दत वापरून पुस्तकांची निर्मिती जावंक आदार जातलो. नवे विशय दिवन लेखकांकडल्यान पुस्तकां बरोवन घेवप जातलें.

हांव मुळांत आशावादी. हांवें म्हज्या ह्या लेखांत कांय कडेन निराशेचे सूर काडल्यात. आसा तातूंत जो समाधानी ना ताकाच नवी वाट मेळटा. रात काळखी आसली तरी आमच्या पावलां पोंदा उजवाड आसा. आमी आमचें दुखणें खंय आसा तें सोदून काडून वस्तूनिश्ट नदरेन फुडलें पावल घालपाचेर आमी भर दिवया. आमच्यांत आशिल्ल्यो त्रुटी भरून काडूंया. गरज आसा ती संघटीत जावन काम करपाची. एका मेकांक सहकार्य करपाची.

ह्या लेखा खातीर म्हायती एकठांय करपाच्या हेतान हांवें म्हज्या वेळार साहित्य अकादेमिचो बाल साहित्य पुरस्कार फाव जाल्ल्या 14 लेखकांक ई- मेलाचेर संपर्क केलो. तांचे भाशेंतली सद्दस्थिती जाणून घेवपा खातीर हो एक ल्हानसो यत्न आशिल्लो. तातूंतल्या कांय जाणांनी जाप धाडली. त्यो जापो वाचून एक गजाल लक्षांत आयली. बाल साहित्याच्या मळार हेर भासांनीय पोशक वातावरण ना म्हणपाचें कळ्ळें. आवय भाशेंत निर्माण जावपी बालसाहित्याक वाचक वर्ग कमी आसात. पुस्तकां खपनात. हेर साहित्य प्रकाराचे तुळेन ह्या लेखकांक फाव ते मान सन्मान मेळनात. अर्थीक नदरेनूय ह्या लेखकांक कोण विचारीनात. असो सूर आयकूंक मेळ्ळो.

कोंकणी एक ल्हान वर्गाची भास. मुळांतूच आमचे वाचक कमी. आमचे कडेन भाशेचे तंटे आजून जीव धरून आसा. पांच लिपयांनी वाटून गेल्ले आमी आमचे भोंवतणी वंयो करून उबे आसात. कोंकणीतली बालसाहित्याची सद्‌स्थीती आमकां खऱ्यांनीच बदलपाची आसा जाल्यार मुक्त विचाराक वाट मेकळी करून दिवपाची गरज आसा. आपले आवय भाशेंतलीं पुस्तकां आपल्या भुरग्यांक वाचपाक दितलों. अशें जण एकल्यान मनाकडेन निर्धार केल्यार वाचकांच्या पावलाची जोड मेळपाक आदार जातलो.

❖ ❖ ❖